**M.E.S. COLLEGE OF ARTS & COMMERCE, ZUARINAGAR-GOA**
**B.A. (CBCS) I Semester End Examination (Regular/ Repeat), January, 2022**
**GE:VEVHARANTLI KONKANI BHAS (KOG-101)**

**Instructions:**

1) *सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.*
2) *प्रस्नां सामकार दरेकाचे गूण दाखयल्यात.*

**Duration: 2Hours** **Max. Marks: 80**

---

**प्रस्न I**. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **(08x2=16)**

1. 'कुळागर' निबंदांत लेखक मामा आनी मामाईचें चित्रण कशे तरेन केलां?
2. कुळागरांत लेखक कसलीं कामा करतालो?
3. 'गंगेचें उदक आनी गोंयचीं सांगटां' ह्या नंबंदाचो विशय स्पश्ट करात.

**प्रस्न II.** सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **(08x2=16)**

1. लेखकान कुळागराची व्हडवीक कशे तरेन गायल्या?
2. 'पेडणेचां सांमारां' ह्या निबंदाचो आशय बरयात.
3. 'गंगेचें उदक आनी गोंयचीं सांगटां' निबंदांत लेखकाक पासयेक गेल्लेकडेन याद जाल्ल्या खंयच्याय दोन मुद्द्यांचेर तुमचीं मतां मांडात.

**प्रस्न III.** सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **(06x2=12)**

1. 'म्हाका सगळें फुकट मरे' ह्या निबंदाचो आशय स्पश्ट करात.
2. 'म्हाका सगळें फुकट मरे' ह्या निबंदांत म्हारग जाल्ल्या गजालींचो नियाळ करात.
3. देवान लेखकाक दिल्ल्या फुकट गजालींची वळेरी दियात.

**प्रस्न IV**. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय एका** विशयाचेर 250 उतरांचो नंबंद बरयात. **(12)**

1. गोंयच्यो सण परबो
2. म्हजे आवडीचो लेखक
3. सैम-एक वर्दान

**प्रस्न V.** सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **(06x2=12)**

1. आमंत्रण पत्राचो नमुनो तयार करात
2. भेटकार्डाचो नमुनो तयार करात.
3. कोंकणी लेखकाची मुलाखत घेवपा संबंदान प्रस्नावळ तयार करात.

**प्रस्न VI.** सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **(06x2=12)**

1. शिक्षक आनी विद्यार्थ्या मदीं 'शिकपाचें महत्व' ह्या विशयाचेर जाल्ले संवाद बरयात.

2. सकयल दिल्ल्या उताऱ्याचो इंग्लिशींत अणकार करात.

सैम ही देवान दिल्ली सोबीत भेट. जशें सैम आमची रखण करता, आमच्यो सगळयो गरजो भागयता तशेंच आमीय सैमाची रखण करपाक जाय. आमी सैमाचेर मोग करपाक जाय. सैम आमकां झाडां, फळां, फुलां, मोनजाती अशें जायतें दिता. पूण आमचेकडल्यान कसलीच आस्त दवरीना. हाका लागून सैमाची काळजी घेवप ही आमची जपसालदारकी आसा.